# अंडर-14 क्रिकेट पंगड निवड चाचणी

ता. 10 फेब्रुवारी 2020

कोपरगांव महाराष्ट्र हांगा 25 ते 29 फेब्रुवारी 2020 मेरेन जावपी 65व्या शालेय राष्ट्रीय सर्तीखातीर अंडर-14 चल्यांचो राज्य क्रिकेट पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान ता. 13 फेब्रुवारी 2020 दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर खेळां प्रकल्प, कांपाल पणजी हांगा निवड चाचणी आयोजीत केल्या.

ता. 1 जानेवारी 2006 दिसा वा त्याउपरांत जल्मल्ले खेळगडें निवड चाचणीत सहभागी जावपाक पात्र आसात.

इत्सुक खेळगड्यांनी आधार कार्ड, जल्म दाखलो आनी खेळाच्या सामानासयत निवड चाचणेच्या थळार एपीईओ श्री. राम कामत हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा/सप/जॉआ/विगां
/ 2020/124